**कोवीड-19 उपचारांच्या फटींच्या दाव्यांविशीं दक्षताय घेवपाखातीर आयुष मंत्रालयावतीन उपाय**

ता. 1 एप्रिल 2020

आयुष मंत्रालयान कोवीड-19 दुयेंसाचेर उपचारांबाबतीत करपात येवपी फटींच्या दाव्यांविशीं जागृताय करून अशें दावे थांबोवपा खातीर पावलां उबारल्यात आनी प्रधानमंत्र्यान कोरोनाचो संसर्ग आडावपा खातीर आयुष दोतोर आनी आयुष संस्थांकडल्यान शास्त्रीय आधार आशिल्ल्या उपायांखातीर सुचोवण्यो आनी प्रस्ताव मागोवपाविशीं केल्ल्या सुचोवणे प्रमाण कामाक सुरवात केल्या.

कोवीड-19 दुयेंसाचेर उपचारांबाबतीत करपात येवपी फटींचे दावे बंद करपा खातीर मंत्रालयान आयुष दोतोरांकडेन संपर्क करपा खातीर व्हिडिओ कॉन्फरंसींग आनी सोशल मिडियाचो वापर सूरू केला. 30 मार्चाक जाल्ल्या व्हिडिओ कॉन्फरंसींग कार्यक्रमातल्यान सुमार शंभर तज्ञांकडेन संपर्क करून फटींचे दावे बंद करपा खातीर जागृताय करपाचे थारायले. कैंद्रीय रेल्वे आनी वाणिज्यमंत्री श्री. पियुष गोयल आनी आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी व्हिडिओ कॉन्फरंसींग कार्यक्रमा वरवीं आयुष उद्देगांच्या प्रतिनिधीक संबोधीत केले.

कोरोनाचो संसर्ग आडावपा खातीर आयुष यंत्रणांच्या माध्यमातल्यान शास्त्रीय आधार आशिल्ले उपाय काडपा खातीर आयुष दोतोर आनी आयुष संस्थांकडल्यान सुचोवण्यो आनी प्रस्ताव मागल्यात. आयुष दोतोर, संस्था, महाविद्यालयां, विद्यापिठां, हॉस्पिटला, संशोधन संस्थां, आयुष उत्पादक, आयुष संघटनां आनी हेरांनी आपल्यो सुचोवण्यो आनी प्रस्ताव link:http://ayush.gov.in/covid-19 ह्या व्हेबसायटीचेर धाडचे, अशें कळीत केला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/209

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA